**राष्ट्रपती कडल्यान गोंयची प्रगती आनी विकासाची तोखणाय**

ता. 19 डिसेंबर 2020

भारताचे राष्ट्रपती श्री. रामनाथ कोविंद हांणी मुक्ती उपरांत गोंयांन विकासाच्या प्रत्येक मळार केल्ल्या भरीव प्रगतीची तोखणाय करून हाचे श्रेय सत्तेर आयिल्ल्या सरकारांनी त्या दिशटीन केल्ल्या प्रयत्नांक फावता, अशें तांणी म्हणले.

राष्ट्रपती आयज कांपाल पणजेच्या दयानंद बांदोडकर मैदानाचेर गोंय मुक्तीच्या 60व्या वर्स सुवाळ्याचो शुभारंभ केले उपरांत उलयताले.

सुवाळ्याक भारताच्यो प्रथम महिला श्रीमती सविता कोविंद, राज्यपाल श्री. भगतसिंग कोश्यारी, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, कैंद्रीय आयुषमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक, शिश्टाचारमंत्री श्री. माविन गुदिन्हो, विरोधी पक्ष फुडारी श्री. दिगंबर कामत उपस्थित आशिल्ले.

गोंय राज्यांन शिक्षण, म्हायती तंत्रज्ञान, उद्देग आनी हेर क्षेत्रात केल्ल्या उदरगतीचो उल्लेख करून राष्ट्रपतीन गोंय राज्य per capita income च्या बाबतीत देशांत पयल्या क्रमांकाचे राज्य आशिल्ल्याचे म्हणले.

गोंय मुक्ती चळवळीचो उल्लेख करून तांणी गोंय मुक्ती खातीर स्वातंत्र्य सैनिक आनी हुतात्म्यांनी केल्ल्या त्यागाचो उगडास केलो. क्रातिकारक डॉ. राम मनोहर लोहिया हांणी स्वातंत्र्य मेळोवपा खातीर लोकांनी एकजूटीन परकीय सत्तेआड लढपाचो उलो मारलो, अशें सांगून गोंयच्या लोकांनी राज्याच्या विकासाखातीर सरकाराच्या प्रयत्नांक काळजा-मनातल्यान सहकार्य करपाचो उलो मारलो.

राज्यपाल श्री. भगतसिंग कोश्यारी हांणी गोंय मुक्ती चळवळीतल्या स्वातंत्र्य सैनिक आनी हुतात्म्यांक आर्गां ओपली आनी गोंय हे भरभराटीचे राज्य करपा खातीर सर्वांगी उदरगतीकडेन वाटचाल करता म्हणपाचे सांगले.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंय मुक्तीच्या 60व्या वर्सा निमतान आयोजीत करपात येतले वेगवेगळे कार्यक्रम न्हय फकत करमणूकी खातीर आसतले, जाल्यार शेती, शिक्षण, उद्देग अशां मळार विकासा खातीर आराखडो तयार करपाच्या प्रक्रियेचोय आस्पाव आसतलो, अशें तांणी सांगले.

कैंद्रीय आयुषमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक हांणी गोंय राज्यांत शेती, नुस्तेमारी, पर्यटन अशां मळार आनीक उदरगत करपाक भरपूर वाव आशिल्ल्याचे सांगले.

विरोधी पक्ष फुडारी श्री. दिगंबर कामत हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

शिश्टाचारमंत्री श्री. माविन गुदिन्हो हांणी येवकाराचे उलवप केले.

उपरांत गोंयचो गाज पंगडान सांस्कृतीक कार्यावळ सादर केली.

डॉ. दयानंद राव आनी अभिनेत्री वर्षा उजगांवकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/748

Issued by:
Department of Information and Publicity
Government of Goa